Date: 09/04/2026 राष्ट्रीय खबरो 8.४० am

- आसाम, केरळम आणि पुदुचेरीत २०२६ च्या विधानसभा वेचणुके खातीर आज मतदान जाता.
- देशभरांत एलपीजी, पेट्रोल, आनी डिझेल फावो त्या प्रमाणांत उपलब्ध आसा असे सरकारान म्हणला.
- भारतान २०२८ त संयुक्त राष्ट्र हवामान बदल फ्रेमवर्क कन्व्हेन्शनच्या COP 33 चे आयोजन करपाचो आपलो प्रस्ताव फाटी घेतला.
- आयपीएल क्रिकेटांत आयज सांजवेळा कोलकाताच्या ईडन गार्डन्स मैदानाचेर कोलकाता नाइट रायडर्स आनी लखनौ सुपर जायंटस खेळटले.

वेचणुक

आसाम, केरळम आणि पुदुचेरीत २०२६ च्या विधानसभा वेचणुके खातीर सगळी तयारी पुराय जाल्या. विधानसभा वेचणुके खातीर आज मतदान जाता. आसामातल्यो सगळ्यो १२६ सुवाती, केरळमतल्यो १४० सुवाती आनी पुदुचेरीतल्या ३० सुवातां खातीर मतदान जाता. सकाळी ७ क मतदानाक सुरुवात जाली आणि ते सांजे ६ मेरेन सुरू उरतले. तिनुय सुवातांनी मुक्त, निष्पक्ष आणि शांततापूर्ण मतदान सुनिश्चित करपाक सगळी व्यवस्था केल्या. तिरुवनंतपुरम प्रतिनिधीन दिल्ल्या खबरे प्रमाण केरळमात एकूण ८८३ उमेदवार रिंगणात आसात. पुदुचेरीत २९४ उमेदवार वेचणुक लडयता. आसामात एकूण ७२२ उमेदवार रिंगणात आसात.

आसामचे मुख्य वेचणूक अधिकारी, अनुराग गोयल हाणी सगळ्या पात्र मतदारांक विधानसभा वेचणुकीत आपलो मतदानाचा हक्क बजावपाचे आवाहन केला. मजगती, तामिळनाडूत एका-टप्प्यातले मतदान आनी पश्चिम बंगालातले पयल्या टप्प्यातल्या मतदाना खातीर उमेदवारी अर्ज फाटी घेवपाचो आज निमणो दिस. चारय राज्यांची आणि केंद्रशासित प्रदेशाची मतमोजणी फुडल्या महिन्याच्या ४ तारखेक जातली.

राफेल

आंतरराष्ट्रीय अणुऊर्जा एजन्सीचे महासंचालक राफेल मारियानो ग्रोसी हांणी तमिळनाडूंतल्या कल्पक्कम हांगाच्या प्रोटोटाइप फास्ट ब्रीडर रिएक्टराची गंभीरताय साध्य करपाच्या भारतान केल्ल्या यशाची तोखणाय केल्या. देशाच्या देशी अणुकेंद्रीय कार्यावळींत आनी दीर्घकालीन ऊर्जा शाश्वततेच्या दिकेन हें इतिहासीक पावल म्हत्वाचें पावल दर्शयता. सोशल मिडिया पोस्टांत ग्रोसी हांणी सांगलें की, भारतान मेळयल्लें हे यश इंधन शाश्वतता आनी अणुकेंद्रीय उर्जेच्या फुडारा खातीर एक महत्वाचे पावल आसा.

सुजाता

अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा मदीं देशभरांतल्या खणींनी आनी वीज प्रकल्पांनी कोळशाचो फावो तो सांठो आसा अशें सरकारान स्पश्ट केलें. देशभरांत एलपीजी, पेट्रोल, आनी डिझेल फावो त्या प्रमाणांत उपलब्ध आसात असे सरकारान म्हणला. सामान्य पुरवण चालू आसा, घरगुती गिरायकांक शंबर टक्के पुरवण सुनिश्चीत करपा खातीर वेपारी एलपीजीची पुरवण नियंत्रीत करून पीएनजी जोडणी आनी वेपारी एलपीजीची पुरवण मापांकीत पद्दतीन वाडायल्याचे पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयांतली संयुक्त सचीव सुजाता शर्मा हांणी सांगलें.

इराण

इराणांतली परिस्थिती पळोवन विदेश मंत्रालयान भारतीय नागरिकांक दूतावासाच्या समन्वयान सुचयल्ले मार्ग आपणावोन बेगोबेग इराण सोडपाचो सल्लो दिला. दूतावासाकडेन आदींच सल्लो घेनासतना आनी समन्वय घेनासतना दुसऱ्या देशांनी वचपाचो यत्न करचो न्हय असो सल्लो मंत्रालयान दिला. भारतीय नागरिकांकय अधिकृत म्हायतीचेर बारीक नदर दवरपाची मागणी केल्या.

COP 33

भारतान २०२८ त संयुक्त राष्ट्र हवामान बदल फ्रेमवर्क कन्व्हेन्शनच्या ३३ व्या कॉन्फरन्स ऑफ द पार्टीजचे (COP 33) आयोजन करपाचो आपलो प्रस्ताव फाटी घेतला. सूत्रां प्रमाण हो, निर्णय २ एप्रिलाक आशिया-पॅसिफिक गटाक कळयला. भारतान २०२८त COP-33 शिखर परिषदेचे आयोजन भारतात करपाचो प्रस्ताव दिल्लो. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी डिसेंबर २०२३ त संयुक्त अरब अमिराती (UAE) हांगा COP-28 च्या उच्चस्तरीय सत्राच्या उक्तावणा वेळार आपल्या विशेष भाषणात भारताचो हो प्रस्ताव मांडिल्लो . केंद्रीय मंत्रिमंडळान फाटल्या महिन्यात भारताच्या २०३१ ते २०३५ या कालावधी खातीर राष्ट्रीय निर्धारित योगदानाक (NDC) मंजुरी दिली जाका लागुन UNFCCC आणि पॅरिस कबलाती अंतर्गत देशाची महत्त्वाकांक्षा वाढली, तशेच शाश्वत विकास आनी हवामान न्यायाप्रती आशिल्ली देशाची वचनबद्धता अधिक घटट जाली.

जयशंकर

परराश्ट्र मंत्री डॉ एस जयशंकर आयज सावन मॉरिशस आनी संयुक्त अरब अमिरातीच्या दौऱ्यार आसतले. आपल्या भेटीच्या पयल्या पावडयात डॉ जयशंकर णव्या 'इंडियन ओशन कॉन्फरन्स' सहभागी जावपाक मॉरिशसाक भेट दितले .

या  भेटी वेळार परराश्ट्र मंत्री मॉरिशसाच्या फुडाऱ्यांकडे चर्चा करतले आनी द्विपक्षीय संबंदांच्या सगळ्या तासांचो नियाळ घेतले. तशेंच हे परिशदेंत ते मुखेल भाशण दितले. परिशदेच्या निमित्तान डॉ जयशंकर हेर सहभागी राश्ट्रांतल्या आपल्या समपद्स्थाकडे चर्चा करतले अशी अपेक्षा आसा. भारताचें 'शेजारी पयली' धोरण, 'व्हिजन ओशन' आनी 'ग्लोबल साउथ' कडेन भारताची वचनबद्धताय हे भेटींतल्यान अधोरेखित जाता.

शौर्य दिवस'

आयज गुजरातांतल्या कच्छ जिल्ह्यांतल्या सीमावर्ती भागात आशिल्ल्या 'सरदार पोस्ट' हांगा 'शौर्य दिवस' मनयतले. ह्या  वेळार दळाचे वरिश्ठ अधिकारी आनी जवान 'गार्ड ऑफ ऑनर' दिवन हुतात्म्यांक श्रद्धांजली दितले; तशेंच बँड प्ले वरवीं तांकां श्रद्धांजली ओपतले. १९६५ वर्सा भारत-पाक संघर्शांत सुरक्षा दळान दाखयल्लें असामान्य धैर्य आनी शौर्य हांचो उगडास करपा खातीर दर वर्सा ९ एप्रीलाक 'शौर्य दिवस' मनयतात.

नायडू

केंद्रीय नागरी विमाणन मंत्री राममोहन नायडू हांणी देशांतर्गत विमान कंपन्यां खातीर जायते थकाय दिवपी उपाय जाहीर केल्यात; तातूंत लँडिंग आनी पार्किंग शुल्कांत 25 टक्के उणाव आसपावीत आसा. भारतीय विमान कंपन्यांवेलो परिचालन खर्चाचो ताण उणो करप आनी संवसारीक इंधनाचे दर वाडले तरी विमान प्रवास प्रवाशांक परवडपी उरचो हो निर्णया फाटलो मुखेल हेत आसा. संवसारीक कच्च्या तेलाच्या बाजारांतल्या अस्थिरतायेक लागून विमान टर्बाइन इंधनाच्या दरांत व्हड प्रमाणांत वाड जाल्ल्यान विमान क्षेत्राचेर वायट परिणाम जाला अशें नागरी विमान मंत्रालयान स्पश्ट केलां.

ह्या ताज्या हस्तक्षेपाच्या उपायांचो  एक भाग म्हूण मंत्रालयान विमानतळ अर्थीक नियामक प्राधिकरणाक देशी उड्डाणां खातीर सगळ्या मुखेल विमानतळांचेर लँडिंग आनी पार्किंग शुल्क 25 टक्क्यांनी उणो करपाचो निर्देश दिला.

रिझर्व्ह

भारतीय रिझर्व्ह बँकेन चालू अर्थीक वर्सा खातीर पयलें द्विमासिक चलन धोरण जाहीर करतना व्याजदर 5 पुज्य दोन पांच टक्क्यांचेर दवरपाचो निर्णय घेतला. चलन धोरण समितीन तटस्थ भुमिका घेतल्या आनी रेपो दर अपरिवर्तित दवरपाविशी एकमतान थारायलां अशे रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी सांगलें.

खरीप

सरकारान  खरीप हंगाम २०२६ खातीर फॉस्फेटिक आणि पोटॅसिक खतांवेल्या पोषक तत्त्वांर आधारित अनुदान दरांक मंजुरी दिली. नवी दिल्लीत माध्यमांक  माहिती दितना, माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी म्हणले की, खरीप हंगाम २०२६ खातीर अंदाजे ४१,५३३ कोटी रुपयांची अर्थसंकल्पीय आवश्यकता आसा. तांणी म्हणले की, या निर्णयान शेतकऱ्यांक अनुदानित, परवडपी आणि कमी दरात खत उपलब्ध जातली. सरकारान प्रल्हादपुरा ते तोडी मोड या ४१ किलोमीटर लांबीच्या जयपूर मेट्रोच्या दुसऱ्या टप्प्याकुय मंजुरी दिली. वैष्णव हाणी म्हणले की, हातुंत ३६ स्थानकाचो आसपाव आसतलो  आणि या प्रकल्पार १३,००० कोटी रुपयांपरस चड  खर्च करतले

फोंडा

भारतीय वेचणूक आयोगान गोयातल्या फोंडा विधानसभा मतदारसंघात पोट वेचणूक घेवपाक आपली आदीची अधिसूचना फाटी घेतल्या. मुंबई उच्च न्यायालयान गोयात दिल्या एका निकाला वरवी   हे पावल उखलला, जातुन न्यायालयान ८ एप्रिलाक आयोगाची १६ मार्चाक जारी अधिसूचना रद्दबातल थारायली. ऑक्टोबर २०२५ त माजी आमदार रवी नाईक यांच्या मरणाक लागुन रिती जाल्ली सुवात भरपाक ही पोटवेचणुक जाहीर केल्ली.

पुण उच्च न्यायालयान रिट याचिका आणि संबंधित दिवाणी अर्जार कार्यवाय करत, अधिसूचना आणि त्या उपरांतची वेचणूकविषयक कार्यवाही रद्द करपाचे निर्देश दिले. हाचे पालन करत, आयोगान पोटवेचणुके संदर्भात वेचणूक अधिकाऱ्यांनी घेतलेल्यो सगळ्यो कार्यवाही अवैध घोषित केल्या.

खेळ

आयपीएल क्रिकेटांत काल रातीं दिल्लीच्या अरुण जेटली स्टेडियमाचेर जाल्ले रोमांचक मॅचींत गुजरात टायटन्सान दिल्ली कॅपिटल्साक फक्त 1 धांवड्यांनी हारयलो. गुजरातान थारायिल्ल्या 210 धांवड्यांचे लक्ष्य गाठताना दिल्ली कॅपिटल्सान 8 विकेटी वगडावन 209 धांवड्यो केल्यो. ह्या वेळार के एल राहुलाची 92 धांवड्यांची खेळी व्यर्थ थारली. गोलंदाजी खातीर रशीद खानाक 'सामनावीर' म्हूण जाहीर केलो. आयज सांजवेळा कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत कोलकाता नाइट रायडर्स आनी लखनौ सुपर जायंटस खेळटले. सांजवेळा 7:30 वरांचेर ही मॅच सुरू जातली.

<><><>

कुस्तींत काल किर्गिस्तानांतल्या बिश्केक शारांत जावपी ‘आशियाई कुस्ती चॅम्पियनशिप 2026’ सर्तींत भारतीय ग्रीक-रोमन कुस्तीपटूंनी पदकांच्या आंकडेवारींत आनीक तीन पदकां जोडलीं. हातूंत नितेश सिवाच हांकां रुप्या पदकाचेर समाधान मानचें पडलें, जाल्यार प्रिन्स आनी सचिन सेहरावत हांकां कांस्य पदक मेळ्ळे.

वेदर

भारतिय हवामान खात्यान आज मेरेन आसाम आनी मेघालय, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, मध्य प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरा, ओडिशा, पंजाब या राज्यांचेर जोगालां आनी वादळी वाऱ्या संयत गडगड मारपाचो अदमास उक्तायला.

आनी आता खबरो सोपोव्चे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

आसाम, केरळम आणि पुदुचेरीत २०२६ च्या विधानसभा वेचणुके खातीर आज मतदान जाता.

देशभरांत एलपीजी, पेट्रोल, आनी डिझेल फावो त्या प्रमाणांत उपलब्ध आसात असे सरकारान म्हणला

भारतान २०२८ त संयुक्त राष्ट्र हवामान बदल फ्रेमवर्क कन्व्हेन्शनच्या COP 33 चे आयोजन करपाचो आपलो प्रस्ताव फाटी घेतला

आयपीएल क्रिकेटांत सांजवेळा कोलकाताच्या ईडन गार्डन्सांत कोलकाता नाइट रायडर्स आनी लखनौ सुपर जायंटस खेळटले